Time : 2½ Hours **KONKANI (T. L.)**

**Subject Code**

| S | 1 | 3 | 2 |
|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 8** **(Printed Pages : 8)** **Maximum Marks : 80**

***सुचवण्यो :*** (*i*) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

1. (क) सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधाना मुखार जोडून वाक्य पुराय करून बरयात : 3

(अ) मंदाकिनी घोवा म्हऱ्यांत बशिल्लीं खरी पूण ..........................

(1) ती आपलें फाटलें जिवीत नियाळटाली.

(2) ती प्रणिता येवपाची वाट पळयताली.

(3) ती प्रताप बेगीन आयल्यार पुरो म्हूण मागताली.

(आ) जाणटेलो शिळोण्या वतालो कित्याक तर ..........................

(1) थंय मनशाचें आंग धरल्यार बरें वखद दिवपी वैज आशिल्लो.

(2) थंयचो वैज ताचो इश्ट आशिल्ल्यान चकाटां मारूंक वतालो.

(3) तो दुयेत आशिल्ल्यान ताका तपासपाक जाय आसले.

(इ) अफोंसेकाचीं तिरस्काराची उतरां आयकून दोतोर गॉमिशाक भिरभिरी मारली तरीय ..........................

(1) तो अपमान गिळून ओगी रावलो.

(2) तो संसदेंतल्यान भायर सरून गेलो.

(3) तो उचांबळ जायनासतना माणसुकेन उलयलो.

(ख) सकयल दिल्लीं विधानां कंवसांत दिल्ल्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां बरयात : 2

(दत्ता दामोदर नायक, मधुसूदन बोरकार, डॉ. नारायण भास्कर देसाय)

(अ) एक धाकटुली चली तांबडो रंग दाखोवन कसली तरी चत्राय दिवंक सोदता.

(आ) कुळारच्यान घरा वताना धुवेची नदर परत परत कुळारचे दिशेन वता.

(ग) सकयल दिल्लीं **खंयचींय तीन** विधानां कोणे कोणाक म्हणल्यांत तें बरयात : 3

(अ) "तुका अंतराळांत वचपाचो भंय दिसना ?"

(आ) "असोच त्या मदल्या रस्त्यान नीट वच."

(इ) "आमी हें सगळें आमच्या घरांत करतात."

(ई) "तूं आयज म्हऱ्यांत आसचें अशें दिसता गो."

2. (क) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय चार** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : 4

(अ) हॉलंडांतल्यो 'फिशिंग विलेजीस' कशो आसात ?

(आ) भुंयकांपातल्यान राखण करपाक सुरक्षीत उपाय खंयचो ?

(इ) मनशान आपलें सपन पुराय करपाक कितें करूंक जाय ?

(ई) शिगम्याची सुरवात कित्यान जाता ?

(उ) घुंवळ येताशी दिसतकच बरोवप्यान कितें केलें ?

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उतरांनी बरयात : 8

(अ) बाबूमामा नवो सोमार कसो मनयतालो ?

(आ) सायमन वेळार आपणालें पयलें मीस सांगपाक आयलोना तेन्ना इगर्जेच्या लोकांच्यो कसल्यो प्रतिक्रिया जाल्यो ?

(इ) बरोवपी फादर फ्रेडी जे.द. कॉश्ता भूक लागतकच कितें-कितें करून खातालो ?

3. (क) सकयल 'ब' गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी 'भ' गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत. त्या त्या कडव्या मुखार योग्य अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात : 2

| **'ब'** | | **'भ'** |
|---|---|---|
| (अ) स्वतः पिकून दुसऱ्याचेच भुकेची पर्वा करपी हे वृक्षा | (1) | तारयो गांवांत पावपाक शिडांत वारें भरता |
| (आ) भल्लो शिडां वाव रे लार्गी तुजो गांव रे | (2) | रूख पिकता तो स्वताची भूक भागोवंक |
| | (3) | शिडांत वारें भरल्यार तारयो रोखडोच तडीर पावता |
| | (4) | रूख आपलें सर्वस्व दिवन पेल्यांची गरज भागयता |

(ख) सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात : 2

(अ) तुजे जिणे आसा ...................................... हालते खांदयें खांदयेंत.

(पदां, गितां, कांतरां)

(आ) मांय मुखार ...................................... हंकार भावा दाखयनाका.

(गर्व, नेट, झेत)

(ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **8** ते **10** उतरांनी बरयात : 2

(अ) पारवे खंयच्या वेळार कोडयो वेंचतात ?

(आ) आमी जैत कशें जोडलां अशें कवी युसूफ अ. शेख म्हणटा ?

(इ) बाबुलो पिडे मांद्रेर लोळटाना मांयन ताची सेवा कशी केल्या ?

(घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **20** ते **25** उतरांनी बरयात : 6

(अ) 'चान्याचे राती' हे कवितेंत कवी संवसार फांत्या पारार कशेतरेन जागोवंक सोदता ?

(आ) मनशाचें यशाचें सपन केन्ना खरें जातलें अशें कवयित्री विजयाबाय सरमळकार म्हणटा ?

(इ) वडाची जीण भाग्याची अशें कवी प्रकाश पाडगांवकार कित्याक म्हणटा ?

(ई) कवीक सैमांत कसलीं विज्मितां दिसतात ?

4. (क) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात : 2

(आंग फुलून येवप, शिंगां लावप, तकली थाऱ्यार नासप)

(अ) आयज बारावेच्या निकालाचो दीस आशिल्ल्यान सुनील <u>बेचैन जाल्लो</u>.

(आ) अस्तंती संगीत आयकून तरणाट्यांक <u>उमेद येता</u>.

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं उरफाटया अर्थांचीं उतरां बरयात : 2

(अ) स्वतंत्र × ..................................

(आ) पुनव × ..................................

(इ) उपाय × ..................................

(ई) मान × ..................................

(ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं विशेशणां करून बरयात : 2

(अ) दुबाव

(आ) पातक

(इ) गोडसाण

(ई) भांगर

(घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं भावनामां करून बरयात : 2

(अ) मायेस्त

(आ) शितळ

(इ) पवित्र

(ई) सोबीत

5. (क) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय स** वाक्यांत कंवसांत दिल्ले सुचवणे प्रमाण बदल करून बरयात : 6

(अ) आमी काळंगां विकप्यांचे बत्तीस मांड मेजले.

(आडी मारिल्ल्या उतरांची जात बरयात)

(आ) ताचे इश्ट तार्चीं फकाणां करपाचे थांबले नात.

(अर्थ बदलिनासतना वाक्य हयकारी करात)

(इ) दिवचले पोरसांथ पनस उबो आसा.

(वाक्य शुद्ध करून बरयात)

(ई) भुरगें न्हय एकलेंय रोगयाळें म्हजें.

(उतरांची योग्य मांडणी करून बरयात)

(उ) आपल्या वावराचें फळ खातना संतोस भोगता.

(वाक्य भूतकाळांत बरयात)

(ऊ) देवाचें गाराणें चालू आसलें.

(वचन बदलून बरयात)

(ए) ती उमळशिकेची रात एकदांची सोंपली आनी सकाळ उदेली.

(अव्यय काडून एक विधान करात)

(ख) सकयल दिल्लीं **खंयचीय दोन** अव्ययां वापरून दरेकी **एक-एक** वाक्य घडोवन बरयात : 2

(अ) शाब्बास !

(आ) वांगडा

(इ) थंय

6. (क) सकयल दिल्लो संवाद सुरज आनी विनय हांचे मंदी आसा. तो तुमच्या उतरांनी पुराय करून परत बरयात : 4

सुरज : विनय, आज नाटक बरें आसा. तूं येता ?

विनय : ..............................................................

सुरज : आरे, अभ्यास सदां आसा.

विनय : पूण पांच तारखेक म्हजी परिक्षा असा न्हय.

सुरज : ..............................................................

विनय : तीन वरांनी कितें जावचेलें आसा कांय म्हणटा ? म्हाका पप्पा धाडचो ना.

सुरज : ..............................................................

विनय : नाका रे बाबा ! ..............................................................

सुरज : बरें तर ! तशें जाल्यार हांव नितेशाक घेवन वतां.

(ख) 'विडी सिगरेट ओडपाचे वायट परिणाम' ह्या विशयाचेर कायतान आनी जॉनी हांचेमदीं जाल्लो संवाद **7** ते **8** वळींनी बरयात. 4

7. (क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात :

मनीस नांवलोकीक जोडटलो जाल्यार ताणें खंयच्याय तरी एका शारांत वचून रावंक जाय. शाराचो विस्तार व्हड. हजार वाठारांतले हजार तरांचे लोक थंय वेपार उद्देगा खातीर येवन राविल्ले आसतात. मनशाच्या कर्तुबांक शारांतूच सगल्यांत चड संदी मेळटात. आपूण कोण आनी केदो, कितलो ल्हान हाचो अदमास ताका थंयच बरो येता आनी शारांतूच तो व्हड जावंक पावता. शारा भोंवतणी गांव आसात. गांवांनी शेतांभाटां आसात, गोरवां आसात, झाडांपेडां आसात म्हणुनूच शारांक गरजेच्यो वस्तू मेळटात. गांव नाशिल्ले जाल्यार शारां चलचींच नाशिल्लीं, तिगचीं नाशिल्लीं, जियेवंकूच पावची नाशिल्लीं. जे संस्कृतायेची आयज आमी व्हडवीक गायतात ती भारतीय संस्कृताय गांवानी जल्माक आयल्या. गांवांनीच वाडल्या. भारतांतलो खंयचोय रुशी-मुनी शारांत वाडूंक ना वा खंयच्याय बंगल्यांत रावूंक ना.

**प्रस्न :**

(अ) नांवलोकीक जोडटलो जाल्यार मनशान कितें करूंक जाय ? 1

(आ) मनशाच्या कर्तुबाक चड संदी खंय मेळटात ? 1

(इ) शारांक गरजेच्यो वस्तू कित्याक मेळटात ? 1

(ई) लेखक भारतीय संस्कृताये विशीं कितें सांगता ? 1

(उ) उताऱ्याक फावोसो माथाळो दियात. 1

(ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून कोंकणीत अणकार करून बरयात : 2

There is joy and happiness all around when it rains. The young and the old warmly welcome the first showers of rain.

(ग) सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन सुमार **100** उतरांनी काणी बरयात : 5

एक शेतकार – घराकुशीक पर्डीग शेत – जमीन कशी खणपाची हो प्रश्न – रातीकडेन चोर येवप – शेतकाराच्या बायलेक जाग येवप – घोवाक उठोवप – "फाल्या आमी शेतांत पुरून दवरिल्लें पयशे आनी भांगर काडून हाडुंया" – चोरानी आयकप – रातभर शेत खणून सोदप – कांयच ना मेळप – शेतकाराक दोश दिवन वचप – देख.

8. (क) तूं अनीश/अनिशा सावंत, रावता फ्लॅट नं. 105, आर्के मडगांव गोंय. ह्या नाम्यार सावन आयच्या काळांत निवळसाण कितली म्हत्वाची तें पटोवन दिवपी चीट तुज्या इश्टाक/इश्टिणीक बरयात. 5

**वा**

तूं टोनी/टिना डायस, रावता घर क्रं. 80, कालापूर गोंय. ह्या नाम्यार सावन तुमच्या वाठारांतले रस्त्यांचेर फोंडकुलां पडिल्ल्यान जायते अपघात जातात. देखून बेगोबेग रस्त्याची सुदारणां करचीं अशी मागणी करपी चीट सरपंच, कालापूर ग्रामपंचायत, हांकां बरय. 5

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय एका** विशयाचेर सुमार **150** उतरांनो निबंद बरयात :7

(अ) गोंयचें सैम आनी फुडार

(आ) विद्यार्थ्यांक वाचनाची गरज

(इ) नुस्त्याबाजारांत एक वर

(ई) पुस्तकाची आपजीण.